# गोंयच्या पत्रकारांनी ओडिशाच्या राज्यपालाची भेट घेतली

ता. 11 डिसेंबर 2024

ओडिशा राज्याच्या अभ्यास दौऱ्यार गेल्ल्या गोंयच्या ग्रामीण पत्रकार संघाच्या वांगड्यांनी आयज ओडिशा राज्याचे राज्यपाल श्री. रघुवर दास हांची राजभवनार भेट घेतली. गोंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर आनी खात्याच्या अधिकाऱ्या सयत ग्रामीण पत्रकार संघाच्या वांगड्यांनी भुवनेश्वर हांगा राज्यपालाची भेट घेतली. राज्यपाल श्री. दास हांणी गोयच्या पत्रकारांक येवकार दिवन वेगवेगळ्या राज्यांची संस्कृती जाणून घेवपा खातीर अशें अभ्यास दौरे आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगलें.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी राज्यपालाक गोंयची पारंपरीक कुणबी शाल आनी नंदादीप भेटयलो.

गोंयच्या पत्रकारांनी ओडिशा विधानसभेचे सभापती श्रीमती सुरमा पाधी हांचीय काल भेट घेतली. तशेंच पत्रकारांनी ओडिशा विधानसभेचे कामकाज पळयले.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर, म्हायती अधिकारी किरण मुनानकर, सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्याम गावकर, म्हायती सहाय्यक सिध्देश सामंत, गोंय ग्रामीण पत्रकार संघाचे अध्यक्ष उदय सावंत आनी हेर पत्रकार वांगडी भुवनेश्वरच्या अभ्यास दौऱ्यार आसात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/695

--

---


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.